**दुसऱ्या देशाचे नागरीकत्व घेवपाच्या प्रकरणी चवकशीखातीर अर्ज/आक्षेप मागयल्या**

ता. 29 एप्रिल 2021

उत्तर गोंय जिल्हो न्यायदंडाधिकाऱ्यान गोंय राज्यांतल्या रहिवाशांनी दुसऱ्या देशाचे नागरीकत्व घेवपाच्या प्रकरणांची चवकशी करपा खातीर आनी नागरीकत्व कायदो 1955 आनी नागरीकत्व नेम 2009 च्या परिशिश्ट-3 त उल्लेख केल्ल्या नेमाप्रमाण केंद्र सरकाराक योग्य शिफारस करपा खातीर ही भौशीक कळोवणी जारी जावपाच्या तारखेसावन तीन आठवड्यांच्या काळाभितर सगळ्यां आदारीत दाखल्यांसयत अर्ज आनी आक्षेप/हरकती मागयल्यात.

केंद्र सरकाराच्या गृह वेव्हार मंत्रालयान जारी केल्ल्या आदेशाप्रमाण नागरीकत्व कायदो आनी नेमांतल्यो तजवीजो लक्षांत घेवन न्याय्य आनी पारदर्शक चवकशी करपात येतली आनी चवकशी उपरांत जिल्हाधिकारी प्रत्येक प्रकरणाच्या सविस्तर म्हायतीसयत केंद्र सरकाराक शिफारस करतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/454

--
Issued by Department of Information & Publicity